कर्नाटक सर्कार

येया, कोंकणी शिकुंया – २

9 वे वर्गाक

कोंकणी तीसरी भास पाठ पुस्तक

भाग – 2

9th Std. Konkani Third Language
Text Book

Karnataka Textbook Society (R.)
6th Cross, Malleshwaram
Bangalore - 560 003.

मांडावळ

क्र.सं	विशय	पान संको
10.	गद्य – पंचायत राज	01
11.	पद्य – मोगाळ उजवाडा	06
12.	गद्य – मिटा चळवळ	12
13.	गद्य – भोंवडी	17
14.	पद्य – भारतीय आमी	23
15.	गद्य – ति काळ्की रात	28
16.	पद्य – म्हजो गांव	32
17.	गद्य – इंडिया 2020	38
18.	पद्य – बरें करून राबात सगळे	44

पाठ – 10
गद्य

पंचायत राज्य

P2Q9P5

भारत प्रजाप्रभुत्व राष्ट्र हांगा प्रजेन प्रजे पासत प्रजे दवरी आडळीत चलोंवचे प्रजाप्रभुत्व व्यवस्था जावन मुखारसून आसा.



प्रजाप्रभुत्वाचे मूळ पंन्चायत राजा व्यवस्था. पंचायत म्हळयारी प्रमूख पांच म्हालडयांची समिती . ही समीती गांवचे आडळीत आनी त्या तीरमान चलयतली .

ह्या पंचायतराज व्यवस्थे प्रकार मुळाव्या हंताचे प्रतिनीधी लोक . वेळा खातीर मतदान मुखांतर विन्चता. गर्वाचे समस्ये परीहार, अभिवृद्धी कामां आनी लोकाचे बरयापणक पडचे तसले नीरदार घेवका .

गांवचे लोकाक शिकप, कृशी सवलत, रस्तो, वीज, वैध्यकीय सवलत, पिवचे उदक हे सगट दीवांक गांधिजीचे प्रकार भारतांचे स्वातंत्र मूळ थावन सुरू जायचे . हरयेक हळळी प्रजा प्रभुत्व व सशक्त पांचायत जायचे .

हे एक कारणांत गांवचे उदरगतीक मूळ सवलत मेळूंक लोकाचे भागीदार पण संग्रहीत कोरचा खातीर पंचायत राज व्यवस्था जारी केला.

पंचायत राज स्वतंत्र कानून प्रकार एक वांटो स्त्रियांक अमानत विशेश वर्ग लोकाक मिसलाती दवरतात. सुंक वसूल कोरुंक अधिकार दिता . दफतरां आसचे "कळोवणी फळिये" वेग–वेगळो माहीती लोकाक मेळता दफतारंक कंप्यूटर दिलात. इंटरनेट संपर्क दितात । ई – आडळीत पंचायताक मेळया पंचायताये लोकपाक कळचे परी जमाबदी म्हळले कार्यक्रम



करताती . इतले बरे आडळीत व्यवस्थेक प्रगतीचो हुसको आशिले व्यक्तीक सांदो जावन विंचुचे .उदाक पाडकरीनाशें कचरो थंय हांगा उडोवन परिसर म्हैळें करीनाशें पळोच . आपल्या ग्रामाच्यो बरेपणा खातीर दिल्लीं सुचनां पाळचे .

– बाप ओसवाल्ड मोंतेरो, मंगलूर

लेखकाची वळक:

ओञी पेरमनूर लीखणे नांवान बाप ओसवाल्ड मोनतेरो कोंकणींतु लेखनां, काणियो, आनी हासो बरयता आसा . कन्नड, कोंकणी आनी इग्लीश भाशेंत साहित्य रचना पुरस्कृत जाला .पत्रिकोद्यम समाज शास्त्र चरीत्रें पदवी मेळा . अंतरराष्ट्रीय डिप्लोमा ताणे जोडला .

आशय :

प्रजाप्रभुत्व = भारताच्या संविधानांत व्यक्त जालें प्रमख मौल्य, पंचायत राजा मुखांतर प्रजाप्रभुत्व कशें जारी जाता. आनी हांन्तू लोकचो पात्र कसो आसजे म्हळळें ह्या पाठांत वाजूंक मेळता .

अभ्यास

I. ह्या शब्दाची बहुवचन रूपां बरया:

एलीसावा		सांदो	
येवजण		घर	
वत्ती		हळ्ळी	
तिदवण		सूचन	

II. एकामेका मेळय

1. पंचायत	पंचायातचें लोक पाक	
2. पंचायत राज	कर्नटकांतल्या पंचायताचो विवर	
3. जमा बंदी	हळीतेतले पांच प्रमुख	
4. पंचतंत्र	अधिकार विकेंद्रिकरण	
5. 73 वी संविधानात्मक तिदवण	मुळा हांताचें आडळतें	

III. एक वाक्यान जाप बरय .

1. प्रजा प्रभुत्व म्हळ्यारी कितें?

2. पंचायत राज व्यवस्थेचे तीन हंतां कसली?

3. पंचायत राज व्यवस्था रूता करचे खातीर संविधानाक खंयची तिदवण केली?

4. जमाबंदी कित्या पासात करता?

5. ग्रामाचे येवजणेत भुग्यांक कशें मेतेर करता?

6. पंचायत विंशी गांधिजीन कितें सांगलें?

7. पंचायताक संबंधीत वेबसैट खंयची?

IV. दोन-तीन वाक्यानी जाप बरया.

1. संसद सांदोच्यो आनी विधानसभा सांदेच्यो वावर कितें?
2. भारतीय हळ्ळीचे विशशता कसली?
3. पंचायत राज व्यवस्था कित्या पासात जारी केल्ला?
4. ग्राम सभे थावना कितें फायदो जाता?
5. पंचायत मुखांतर आता लागू जावन आसचो येवजणे खंयची?
6. पंचायत दफ्तरांत संपर्क केंद्री जावन कशें रूपीत केल्ला?
7. पंचायत दफतरांत आसचे हुद्दे खंयचे?
8. पंचायत आडळत्यां संशी आमी कशें संपादन करू येता?

V. ह्या शब्दाक समान अर्थ दिवचो शब्द बरय:

राष्ट्र		बळ		कानून	
सलीस		पाटिंबो		भागीदारपण	

VI. खाली जागे जोकत्या सब्दरुपन बर

परजा	लोक	स्त्री	राग	समाज
परजेन	लोकान			समाजान
परजेक		स्त्रीयेक	रागाक	
परजे द्वारी				
परजे खातीर	लोका खातीर			
परजे वरवीं		स्त्रीये वरवीं		
परजेच्य/ची				
परजे वयर				समाजेर
परजे				

VII. ंसारके वा चूक बरय. चूक आसल्ले कंडे सारकें कर .

1. पर्जेन पर्जे पासत पोलिसां द्वारीं आडळतें चलोंवच्याक प्रजाप्रभुत्व म्हणतांव.

2. पंचायत म्हळ्यार आदल्या काळार हळळेच्या प्रमूख पांच म्हालगडयांची एक समिती.

3. देशाचे उदरगत पासत हळ्यांनी कैगारिका उत्पन्न चडोंवची गर्ज .

4. ग्राम सभेंत ग्रामाच्या सर्व लोकान वांटो घेवयेता .

5. जमा बंदी म्हळ्या वेबसैटांत कर्नाटकांतल्या सर्व पंचायताचो विवर लाभता ।

VIII. योजनः तुमका लग्ती जांवच्या पंचायत्याक भेट दीवन पंचायतांत मेळच्या सवलतें विशीं प्रबंध बरय .

IX. हे शब्द वापरन वाक्य कर

1. मुखांतर
2. बांदून हाडला
3. सुधारण करच्याक
4. संघटीत करचे
5. जारी करचे

X. सारके मांडावळींत बरय .

1. पंचायत थळार संस्थयाक येवजण करन जिल्यांक दितात .
2. स्त्रियांक सरकारी वांटो कानून प्रकार दवरतात अमानत नमिरल्लो .
3. पंचायत राज्य 1993 इस्वेंत कर्नाटक कायदो हाडला .

पाठ – 11
पद्य

मोगाळ उज्वाड



ये मोगाळ उज्वाडा
चलय, म्हाका मुखार .
गुटलोन आयिल्या खंतीं भितर
चलय, म्हाका मुखार .

काजळ काळकाची रात .
घर आसा भारी पयस!
खचीत दाकोवन वाट
चलय, म्हाका मुखार .

आशा ना म्हाजी होडली उबार
पावूल एकच दवरय मुखार
कांपचे पांय करुन थीर !
चलय, म्हाका मुखार .

दीस भर भुल्लोन भोंवलों
कृपा तुजी आदी मागूंक विसरलो
हांवच उमेदीन फुडे चलतालों
चलय म्हाका मुखार .

भयांचे मधें तो आसलो
हंकार हरद्यांत हाडलो
विसरूंक जाय जाय कालतो पाटलो
चलय, म्हाका मुखार .

तुजी दया हाडल्या म्हाका
आनी पातयेता हांव तुका
तूंच आसा तारोक म्हाका
चलय म्हाका मुखार .

रानांतल्या खडपा मधें
दोंगर, पदव बयलां मधें
वोवळार आयल्या व्हाळां मधें
चलय म्हाका मुखार !

वोळवोळचे हे मंद मतीक
पांले जातच दिसत सामकेंच
तुज्या आंज्यांचे हसन्मूख
चलय, म्हाका मुखार.

–इंग्लीश मूळः कार्डिनल नूमन
– कोंकणीक : दामोदर बाळिगा

- **कवितेची झळक**

कार्डिनल नूमनहाची “Lead Kindly Light” नांवाडदीक कविता कोंकणींत तर्जण जावन आमचे मुखार आसा . कशटा मधें देवाचेर विश्वास दवरून मनशा जीवितांत धैरान जयताचे वाटेन मेटां काडूंक कविता प्रेरण करता .

अभ्यास

I. शब्दांचो अर्थ

गुटलोवन = रेवडावन; खंत करची = चिंता करची

काजळ = दोळ्याचा आस इंक वापरची वस्तू

खचीत = खंडीत तारक = रक्षक;

पदव = उबार समत ` जागो; मंद = बुद्धिमांध्य

हसन्मुख = हासचे तोंड, हासचे मुखमळ

II. विरोध अर्थाचे शब्द बरय

उज्वाड	x		रात	x	
उबार	x		हंकारी	x	
मुखार	x		आशा	x	
भय	x				

III. खाली जागे भर

1. गुटलोन आयिल्या _____ भितर
2. खचीत दाकोवन _____
3. कांपचे पांय करुन _____
4. दीस भर भुल्लोन _____
5. फालें जातच दिसत _____

IV. एकामेक मेळय

1. गुटलोन आयिल्या	मागूंक विसरलो	
2. घर आसा	व्हाळा मधें	
3. कृपा तुजी आदीं	खंती भितर	
4. रानांतल्या	भारी पयस	
5. वोवहार आयल्या	खडपा मधें	

V. हे शब्द वाक्यानी वापर :

1. उज्वड
2. आशा
3. वाटा
4. कृपा
5. पात्येणी
6. तारक

VI. एका वाक्यान जाप बरय

1. कवी खंयच्या भितर चलय म्हण उज्वाडा लागीं विचारता?
2. कांपचे पांय कितें करुन मुखार चलय म्हण कवी सांग्ता?
3. कवी कितें मागूंक विसरलो?
4. हरद्यांत कितें हाडलो?
5. कवीक देव केदळा तारक जालो?

VII. शब्द पुर्तें कर

1. वि ____ र ____
2. द ____ प ____
3. फा ____ जा ____ च
4. ह ____ न्मु ____

5. ता ☐ क

6. पा ☐ तां

VIII. घुस्पडल्लें वाक्य सारके कर

1. म्हजी ना होडली उबार आशा ☐
2. मागूंक आदीं विसरलो तुका कृपा ☐
3. तारक आसाय म्हाका तूंच ☐
4. मंद हे मृतीक वोळ्वोळ्चे ☐
5. आंज्यांचे हसन्मुख तुज्या ☐

IX. पद पुर्तें कर

दीस भर .....

.....

.....

..... मुखार

X. पंग्डाक मेळनातल्लो शब्द विंचून बरय

1. उज्वाड, काळक, दीस, रात, रूक ☐
2. घर, बिडार, राळ्ळेर, गुडसल, संसार ☐
3. रान, रूक, बोलें, झाडां सुकणीं ☐
4. दूद, ताक, धंय, लोणी, नीस ☐
5. बोकडी, रेडो, पाडो, गाय, मांकड ☐

XI. सकयल दिल्या चौकांतले शब्द विंचून वाक्य रच

चलय आनी काजळ तुज्या	काळकाची पात्येतां आजांचे	हांव तुका रात मुखार हसन्मुख

XII. हे कवितेचो सारांश तुज्याच उत्रांनी बरय ।

XIII. "उज्वाड म्हज्या जीवनांत" ह्या विशयाचेर धा वाक्यानी प्रबंध बरय ।

XIV. कार्डिनल न्यूमनान इंग्ळीशांत बरयल्ली कविता बरय ।

XV. देकी पर्माणे बरय .

1. चलता चल्लो चल्तालो
2. भोवता
3. विसरलो
4. कांपता
5. भियेतलो

XVI. दिवाळी परबेंत उज्वाडाचो महत्व विवरुन धा वाक्यांत बरय .

पाठ – 12
गद्य

मिटा चळवळ



भारताचे स्वातंत्र खातीर देश भर वेवेगळया जाग्यांत चळवळ महात्मा गांधीजिच्या मुखेलपणार चले हे संग्रामांत भोव परिणामकारी जालेले चळवळ म्हळयारी मिटा चळवळ सरकारी अधिकारी शिकप शिकचे विद्यार्थी सयत गांधीजिच्या उलोवाक पाळो दीवन चळवळेक देंवले

दरयाच्या उदका थावन जाय पूरते मीट तयार करुन भारतीय लोकान वापरचे मिटा वयर ब्रिटीश सरकारान सुंक जारी केले . हाचे विरोध करुंक गांधीजीन लोकाक संघटीत केले . देशाच्या कोनशा कोनशांनी देश भक्त लोकान व्हड उमेदीन हांतू वांटो घेवून ब्रिटीश सरकारन आपले बळ दाकयलें स्वातंत्र चळवळेचे चरित्रेंत भांग्राळ्या अक्षरानी बरयचे जाल्ले हे घडीत .

कर्नाटकाच्या कोंकण करावळीचे गांवा कुमटा, अंकोला, आनी कारवार हांगा आशचे कोंकणी लोकाचे भागिदारपण आनी आध्यात्मीक तळार देशाच्या आनी विदेशाच्या लोकाक दैवीक सकत लाभयित आसा . ह्या मधें रुचीक मीट उत्पादन करचे मिटा गादे पळेतना मिटा चळवळेंत ह्या प्रदेशाच्या कोंकणी लोकांचे भागिदारपण उडगासाक हाडता . ह्य वर्वी अंकोला कर्नाटकांचे बार्डोली म्हण नांवाडलां .

1930 इस्वेच्या एप्रिलात 13 तारिकेर अंकोलांत 40 हजार लोक जमल्लो. चळवळेंचे मुखेलपण एम.पी. नाडकर्णी हाणे घेतल्ले . हे चळवळेंत प्रमूख चळवळेगार जावुन आसले कार्नाड सदाशिवराव, उमाबायशी कुंदापुर, डा. हर्डिकर, टी. एस, नायक, भागिदार जावन आसले .

अंकोला दर्या वेळेर दरयाच्या उदकान तयार केल्ले मीट जमो कोरन घरा – घरांनी विकले . होन्नप्प नायक हाणे घेतलों . हाच्या मुखेलपणार दाड घालन ते मीट वरुन कुमटा शहरांत विकलें . अशींच चळवळ 45 दीस चल्ली. मंगळूर, उडुपी, कुंदापुर, पुत्तूर पडुबिद्री सवें 30 केंद्रानी चळवळ चलोवन व्हेले .

– पाठ पुस्तक समीती

आशय :

भारताचे स्वतंत्र चळवळींत आमचे कोंकणी लोकाचे पात्र हांगासर उल्लेख केला राष्ट्रीय दिश्टेच्या मुखेलपणाक आनी त्यागी समर्पीत चळवळेक प्रेरण हांत आसा .

अभ्यास

I.

शब्दाचो अर्थ

सुटकी = स्वातंत्र;	सुंक = तीखो
विकरो = माल विकचे;	भरपूर = धाराळ
पाटिंबो = आधार	शेतकार = कृशीक
दाड = आक्रमण	उदरगत = अभिवृद्धी, प्रगती

II. विरोध अर्थाचे शब्द बरय

1. बंधड x
2. विदेश x
3. विकले x
4. व्हड x
5. बरें x
6. तेनका x
7. मुडला x

III. एकामेक मेळोवन बरय

1. ब्रिटीश सरकारान	चळवळेंत भागिदार जाले	
2. सादो लोक उरबेन	गोकर्ण	
3. कर्नाटकांचे बार्डोली	मिटा चळवळ	
4. आध्यात्मीक थळ	सुंक जारियेक हाडले	
5. माहात्मा गाधिजिच्या मुखेलपणाक	अंकोला	

IV. एका वाक्यान जापी बरय:

1. गांधिजीन ब्रिटीश सरकारांचे खंचे कायदो मोडूक उलो दिलो?
2. अंकोलाक किते म्हण आपयतात?
3. अंकोला मिटा चळवळ केदाळा प्रारंभ जाली?
4. अंकोला मिटा सत्याग्रह कोणाच्या मुखेलपणार जाले?

V. ह्या सवालाक तीन-चार वाक्यानी जापी बरय

1. गांधिजिच्या मिटा चळवळा विशीं बरय
2. ब्रिटीश सरकारान मीट उत्पादना वयर सुंक जारियेक हाडल्याक कशी प्रतिक्रिया दाकयली?
3. अंकोलाचो भौगोळीक परिसर वर्णन कर

VI. तिक्टयांत दिल्लें शब्द विंचून वाक्य पूर्ण करा

(आसल्ली, जिल्याचो, केलें, हाडलें, लाभ्लो)

1. ब्रिटीश सरकारान मीट उत्पादना वयर सुंक जारियेक _____
2. गांधिजिचे चळवळेक कर्नाटकांत लोका थावन बरपूर _____
3. अंकोला उत्तर कन्नड _____ एक तालूक
4. वेवेगळ्या जागयांनी चळवळ चलून _____
5. दरयाच्या उदकान तयार केल्लें मीट जमो _____

VII. ह्या शब्दांची एकवचन रूपां बरय : वांटे, केंद्रां, शहरां, दीस, अधिकारी, अक्षरां
VIII.वाक्यांनी प्रयोग कर

1. वांटो घेतलो _____
2. चलोन व्हेलो _____
3. भागिदार जालो _____
4. मांडावळ _____
5. मेतेर जांवचें _____
6. नांवाडला _____
7. पाळो दिवचो _____

IX. ह्या पाठांत आयिल्ले 10 क्रिया शब्द विंचून बरय .

दाकल्याक : घेतलो, हाडता .

X. ही वाक्यां घडिताच्या क्रमानुसार बरय .

1. विद्यार्थिनी आनी श्शेतकारानी व्हडा संख्यान चळवळेंत वांटो घेतलो .


XI. भारताचे स्वातंत्र चळवळगारांच्यो चित्र संग्राह कर .

XII. भारताचे स्वातंत्र चळवळींत भाग घेतल्या खंच्याय एका फुडारा विशीं जोक्ते तयाराचे संगीं ५ मिनिटांचे भाशण कर .

पाठ – 13
गद्य

भोंवडी

T4N2Q9



(विवीध कोंकणी बोली उलोंवची भुरगीं शिक्षिका सांगात भोंवडेक वतात.)

टीचर : भुरग्यांनों, आता आमी लागसर आसच्या नेहरू पार्काक चमकुव्या. वताना मार्गा देगेन चलचे. वचे वाटेर तुमका दिसचें गुमान दीवन पळोवचे. ही एक शिकपा भोंवडी.

सुरेश: आमी रसत्या देगेनच कित्याक चलचे? तुमका भय दिस्तागी?

श्शैला : व्हय रे! आमका भय जाता. आज पूरा रसत्यार वाहनां भोरनू गेल्यांची. थोडे तरनाटे वाहनां धांवडायताना मुखारी मनश्याक पळयनांची. अवसरान वेगान गाडी व्हरताना अवघडां घडचो संभव चड.

भवानी : आनी थोडयांक व्हड होर्ना वाजोंवचें अभ्यास आसा. लोकाले कान केप्पे जाता. हांच्या पंताटान कोण कोणाची बली जाता.

प्रशांत : पळे, त्या वाहनां थावन येवचो धुंवर पळेया. तो सीदा आमच्या पोप्सांकच वता. त्या धुवरांत कार्बन मोनाक्साईड आनी लेड (सीसें) म्हळ्ळीं रासायनीक वस्तू आसतात. तीं आमचे भलायकेक बाधक हाडतात.

टीचर: पूण तुमगेल्या हातांत वाहनां आयल्यार अशीत करशातगी? इस्कोला लागीं "वाहनां सावकास व्हरा" म्हळ्ळो हिशारो आसताना तो तुमी चोयलागी?

भवानी: व्हय टीचर. इस्कोलाचे गेट मुखार रस्तो उतरोंच्याक सलीस जावच्याक रसत्याक धवो–काळो रंग दीवन "झीब्रा" क्रासिंग व्यवस्था केल्या. थोडया जाग्यांनी रस्तो उबारून हंप रचतात .

सुरेश : आस्पत्र्यां लागसर, इस्कोल लागसर होर्न वाजोंवक अडवर्लां. भोव गरजे वेळीं मात्र होर्न करयेत .

प्रशांत : वाहनां थावन येवचो धुंवर परीक्षा करूंक (एमिशन टेस्ट) व्यवस्था आसा । इंजीन बरया स्थितेर सांबाळ्यार धुंवर ऊणो करयेत .

(तितल्यार श्शैलान किंक्राट मारली . तें निसरून पडचे वेळीं टीचरीन हाताक धरलें)

सुरेश : (हासून) शैलान केळ्या साली वयर पाय दवरून निसरलें .

भवानी: देकुनच टीचरीन सांगल्लें; जाग्रतेन चलूंक म्हण . केळीं, मुसुंबी आनी हेर फ़ळवस्त खावन साली रसत्यार व लोकांनी चलून वच्चे वाटेर उडयता .

श्शैला: वाटेर वत्ताना आमी चत्राय केल्यार पावना . कचरो असो मार्गार उडोवच्याक नज . ते व्हरून कचर्या डब्या भितर घालका .

टीचर: कोण आज काल आमी अशें करताचीं? पोर तुमगेले क्लासींत चोकलेट वांटलेंमू, तेंची कागदां खंय उडयिल्लीं तुमी? उडगास करा ! (सकडां लजेवन तकली सकयल केली)

प्रशांत : छी..! थंय पळेया. त्या कचर्या डब्या भोंवतणी कितलें गलीज! लोक कोयर हाडून डस्टबिनांत घालचे बदलाक थंय उडोवन गेला.

सुरेश : थोडे घरा भितरलो कचरो घरा भायर मार्गार उडयतात .

टीचर: घर नितळ दवरल्यार पावना; गांवय नितळ दवरिचे . कोयरांत कसल्या रीतिच्यो वस्तू आस्तात, सांगशातगी?

भवानी : रांदयेच्यो आनी फ़ळ वस्तुंच्यो साली, कागदां कुडके: त्यो कुसुन वता प्लास्टिक, लोकंड: तें परतुन नव्या रुपार उपयोग करयेत . कान्नडिचो खोंचोयो; त्यो विलेवारी करताना जाग्रत सांबाळका पडता.

प्रशांत : आज काल प्लास्टिक कोयर भोव मारेकार जावन आसा . तो कुसना . हुल्पायल्यार उबजोंवचे धुंवर भलायकेक भारीच मारेकार. मात्येक भरसल्यार रूक, झाडांच्या पाळांक रेवडून तांचे वाडावळेक बाधक येता . गटारांत पडल्या उदका व्हाळाक आड जावन उदाक भरून येता . आनी घरांनी तशेंच श्शहरांत भरता.

श्शैला : देकूनच आज काल कुसच्या कोयरा थावन प्लास्टिक आनी हेर वस्तू विंगड करतात . कुसचे कोयरा थावन कंपोस्ट गोबर करतात . रूक–झाडांक हो बरो ईट जाता. प्लास्टिक आनी हेर वस्तू नव्यान उपयोग करतात .

सुरेश : देकुनच कोयर थंय–हांगा उडयनास्ता घरांत वेगळो करून उपरांत तो संग्रह करतल्यांक पावीत केल्यार कचरो निर्वहण सलीस जाता न्हय वे?

भवानी : असय, हांगा कसली घाण येता?

प्रशांत : ती व्हाळाच्या म्हेळ्या उदकाची घाण. पळे तें काळें–काळें म्हेळें उदाक. सगळ्या शहरांत म्हेळें व्हाळत आसा ।

सुरेश : हें उदाक खंय वता?

शैला : तें उदाक पेंटाचे एका जागयार आधुनीक तंत्रज्ञान बळसून नितळ करताची. म्हेळें सांगाता कुस्सून गोबर तयार करताची. उदाक शेतांक उपयोग कोरयेत.

भवानी : उदाक ऊणे जावच्या काळार उदकाचो उपयोग जाग्रतेन करका न्हयगी?

टीचर : आज काल नितळ उदाक मेळचें कश्ट जाल्ला. म्हेळ्या उदका वरवीं भलायकी बिगडता. नितळायेक उदाक मेळना. नितळ उदाक वीणें जीवित कश्ट जाता. दकूनच तुमका इस्कोलांत जवाबदारेन उदाक वापरूंक सांगताची. उदका नळी उगती आसल्यार बंद कोरका. लाभलें उदाक झाडांक घालका.

शैला : तर, उदाक उरोंवक आनी उदाक जीरोंवक आमी शिकप्यानीं कितें कोरचे म्हणू वनमहोत्सव कार्यावेळीं आयिल्लो मुखेल सोग्रान भाशण केल्लो उडगास येता.

प्रशांत : उदाक व्हाळून धरयाक मेळचें आडायचे. वयर टारसीचें उदाक नळये मुखांतर टाकींत जमयचे. हें उदाक गरजेंक वापरूं येता.

सुरेश : ल्हान फ़ोंड काडन पावसाचें उदाक त्या फ़ोंडा मुखांतर धरणींत जिरयल्यार अंतर्जल जावन आमकांच पाटीं मेळता.

भवानी : अशी सगळ्यांनी केल्यार उदकाचो तत्वार येना. पावसाचें उदाक घटारांनी भरून पेंटेनी उबार याना.

(अशें उलोवन उलोवन चमकताना नेहरू पार्का लागसर तीं पावलीं. पार्काची धरण पाचव्या तणांत सजल्ली थर थरावळ सोबायेचे रूक, फ़ुला–झाडां, भोंवार सोबून आसल्लो. प्रशांत नितळ वारें व्हाळतालें. हें भोंवार पळयल्लीं भुरगीं पुळकीत जालीं. चितळां बरीं उडूंक लागलीं. टीचरीन तांका एक खेळ खेळयलो. उपरांत तांका ऐसक्रीम आनी हेर खाण वस्तू घेवन दिल्यो. खाण खाल्या उपरांत सगळ्यांनी ऐसक्रीम खाली कप्पां, प्लास्टिक चिलां, कागदां प्लेटी थंयच उडयलीं. हें पळेल्या टीचरीन तांका सांगलें.)

टीचर : भुरग्यांनो, पार्काक येताना तुमी खंयच्या विशयांत उलोवन आयल्यात?

भवानी: प्रकृती सोबाय, नितळाय सांबाळचे विशीं उलयिल्लें.

टीचर : प्रकृती सांबाळचें हेरांक मात्र आमी सांगचेगी? आमचीय ती जवाबदारीगी?

प्रशांत : आमची सकडांची जवाबदारी टीचर.

टीचर: भुरग्यांनो, आमी बरीं जाल्यार गांवच बरो. तुमी असो कचरो उडयिल्यान पार्काची सोबाय कितली विभाडली पळेया. हें नितळ करीचे म्हण तुमका भोगनांगी?

श्शैला: सांगाता आमी सकडां सांगाता पार्क नितळ करूंया टीचर. (टीचर आनी भुरगीं सकडां सांगाता मेळून पार्क सगळें नितळ करतात.)

टीचर: आतां पळेया, पार्क कितलें सोबीत जालें. अशेंच आमी आमचें घर, परिसर नितळ सांबाळळें तर सगळो गांवच नितळ उरता. घरा भायलें परिसरय आमच्या घरा बरीच नितळ सांबाळीचे . आमी सकडांनी अशेंच नितळाय सांबाळ्यार आमका सकडांक नितळ वारें, उदाक मेळतले . तुमी तयार आसातगी?

भुरगीं : (सांगाता) जायत टीचर.

(टीचर आनी एक नवें लिसांव शिकल्लीं भुरगीं संतोशान उपरांत पार्का थावन घरा पाटीं गेलीं)

– अरुण फ़ेर्नांडीस

लेखकाची वळक:

अरुण फ़ेर्नांडीस हाणें अणू सिद्धकट्टे म्हळ्या नांवान कोंकणी पत्रांनी विश्लेशणात्मक लेखनां बरयल्यांत । 20-25 काणियो कोंकणी पत्रांनी फ़ायस केल्यात. साबार कविताय ताणें रचल्यात.

आशय :

शहरांत जांव हळळेंत, आमी सुखा–समाधानान जियेजे तर बरें नागरीकपण गरज आसा. 'हांवे मात्र न्हय; हेरांनीय बर्यान जियेजे' म्हळ्या चिंतपान बरें नागरीकपण उदेता. "जीये आनी जीयेंवक सोड" – हो मनोभाव रूता करूंक विद्यार्थीक बरो अवकाश आसा.

अभ्यास

I. शब्दाचो अर्थ

पंताट = कोण मुखार वता म्हळळो स्पर्धो; पोप्सां = श्वासकोश;
सलीस = सुलभ; कचरो = कोयर; मारेकार = अपायकारी;
भिगडचें = पाड जांवचे; तत्वार = वस्तू/संगती उणयो जांवचो;
विभाडचें = पाड करचें सांबाळ = राकून दवर, जागरूकतकाय पळे

II. विरोध अर्थाचे शब्द बरय

1. लागीं x
2. मुखार x
3. सावकास x
4. उरोंवचे x
5. नितळ x

III. दाकल्ल्या प्रकार बरय:

1. कर–करा
2. हाड
3. दी
4. उडय
5. सांग
6. भर
7. उलय
8. सांबाळ
9. खा
10. वांट

IV. एका वाक्यान ह्या सवालांक जाप दी:

1. अवसरान गाडियो चलयल्यार कितें जाता?
2. कुसच्या कोयरा थावन कितें तयार करयेत?
3. वाहनां चलोंवच्ये विशीं इस्कोलां लागीं कसलो हिशारो आसता?
4. खंयसर होर्न वाजोंवक अडवारला?
5. रसत्यार चलताना कसली चत्राय घेवचे?
6. खंयसर कचर्या डब्बे दवरतात?

7. म्हेळें उदाक कित्याक पियोंवक नज?

V. ह्या सवालांक दोन–तीन वाक्यांनी जाप बरय:

1. भुरग्यांनी पार्काक वचे वाटेर कितें सर्व गुमान दीवन पळयलें?
2. रसत्या पयणार अवघडां घडनातल्लें परीं कसली मांडावळ केल्या?
3. कोयरांत कसल्या वर्गाच्यो वस्तू आसतात? त्यो कश्यो परत्यान वापरूं येता?
4. अंतर्जल चडोंवक तुमगेर कितें करयेत?
5. उदाक जिरयल्लें वरवीं कितें फ़ायदो जाता?

VI. हीं वाक्यां तुज्या शिकपा माध्यम भाशेंत भाशांतर कर:

1. वाहनां सावकास व्हरा
2. चत्रायेन चलचे
3. कचरो मार्गार उडोंवक नजा
4. उदका नळी उगती आसल्यार ती बंध करीचे

VII. हीं उतरां सारकें वाचून उपरांत तांतून आसच्या विशयां वयर 5 सवालां बरय

आज काल प्लास्टिक कोयर भोव मारेकार. तो कुसना. हुल्पायल्यार उबजोंवचो धुंवर भलायकेक भारीच मारेकार. मातियेक भरसल्यार रूक झाडांच्या पाळांक रेवडून तांचे वाडावळेक बाधक येता. गटारांत पडल्यार उदका व्हाळाक आड जावन उदाक भरून येता आनी घरांनी तशेंच शहरांत भरता. आतां पळेया, पार्क कितलें सोभीत जालें. अशेंच आमी आमचे घर वा परिसर नितळ सांबाळ्ळें तर सगळो गांवच नितळ उरता. घरा बायलें परिसरय आमच्या घरा बरीच नितळ सांबाळिजे. आमी सकडांनी अशेंच नितळाय सांबाळ्यार आमका सकडांक नितळ वारें, उदाक मेळतलें.

VIII. "भुरगीं चितळा परीं उडूंक लागली" – ह्याच रीतिच्या अलंकारान सांगची 4-5 वाक्यां बरय.

IX. ह्या पाठांतलें संभाशण वाचताना तुवें शिकल्ले, हेर बोलींतले खंयचेय 15 शब्द पट्टी कर


X. बरें नागरीकमण प्रसारूंक उपकारचीं घोश वाक्यां (स्लोगन) व्हडा कागदार, रंगाळ अक्षरांनी बरया आनी जोकत्या जाग्यार चिडकाया.

XI. वाहनां चलयताना कसली चत्राय घेंवक जाय म्हळळें विशीं तुज्या इश्टाक एक पत्र बरय

पाठ – 14
पद्य

भारतीय आमी

W3T9W8



भारतीय आमी भारतीय आमी हेच भूमी वयले
भारत राखुवया आमी भारतीय सगळे.

हो हिमालय हो सह्याद्री विंद्य हो आमगेलो
गंगा यमुना कृष्णा कावेरी पुनीत ह्यो न्हंयो
मनीसपणाचे उले आयकलें हेत भुंयेर पयले
आयला वेळ एकतार जाय आमी न्हंय आमी दुबळे

आपले करनेक मनीस हांगा देवाक पावलो
मनीस धर्म वेगळ्या गांवांत उदयाक आयलो
सत्य अहिंसा परम धर्म आमी मानल्लो
हीच शिकोवण परत शिकून जाव्यां सबळे

भारत भुंयचे शिमाचेर आमीच राखतले
सकड भेदांक नश्ट करून तिरंगा राखतले
प्रसंगार रगतांय दिवून प्राणय वोंपतले
भुंयेन दिल्या उल्याक आमीच पावतले

स्वार्थ असूया द्वेश मत्सर आमी काडताले
त्याग मोग सहन उदार आमी धन करताले
जातकात धर्म भेद आमी दूर दवरताले
हेच भुंयचे धनी आमी न्हय मेणाचें बावलें

– कवी : सुरेश रा. पै

- **कवी परिचय:**

  कामाक्षीदास काव्य नांवांन बरोंवचे सुरेश रा.पै. गोंयच्या कुडचडेचे कोंकणी आवय, जयताची घडी, गीतामृत, गीता सुधातांची प्रख्यात काव्यां पुस्तका.

- **कवीतेची झळक:**

  भारतांत जियेंवच्या आमी सर्व भारतीयांनी ह्या देशाचे वडवीकाये थंय अभिमान भोगून, देशाचे उदरगते खातीर सौहार्दतेन वावर करूंक कवी हे कविते द्वारी आमका उलो दिता.

अभ्यास

I. शब्दांचो अर्थ

पुनीत = पवीत्र;
परम = श्रेश्ठ;
सबळे = सक्तेवंत; बळाधीक
तिरंगा = तीन रंगांचो बावटो;
उलो = आपोवणें;
भागी एकतार = एकवट
मानिल्लो = मान्य केलो
शीमे = मेर, (गडी)
वोंप = अर्पण
बावलें = खेळची वस्तू, खेळणी (बोंबे)

II. विरोध अर्थाचे शब्द बरय:

धर्म	x		दुबळो	x	
स्वार्थ	x		पयलो	x	
सत	x		मोग	x	

III. एकवचन रूपां बरय:

उले		दुबळे	
न्हंयो		सगळे	
आयले		धनी	

IV. बहुवचन रूपां बरय:

भूमी		मनीस	
मोग		भास	
गांव		जात	

V. एकामेकाक मेळोवन बरय:

हिमालया	आमी	
शिमे	न्हंय	
यमुना	पर्वत	
राकणे	मेर	
भारतीय	रक्षक	

VI. एका वाक्यांत जाप बरय:

1. भारताच्यो पवित्र न्हंयो खंयचो?

2. परम धर्म कितें?

3. आमी तिरंगा बावटो कसो राखूक जाय?

4. आमी कसले गूण काडका?

5. कसले शेगूण आमचे धन जांवक जाय?

6. आमी कसले भेदभाव सोडचे?

7. भारत मातेचे राखणे कोण?

8. कित्याक वेळ आयला म्हण कवी सांगता?

9. कित्याक स्थान नाका म्हण कवी सांगता?

VII. विविंगड अर्थांनी वाक्य कर

देकीक : कूड

- धन्याचें **कूड** माळ्येर आसा
- संदीपाचे **कुडींत** सकत ना

कान

मान

पाव

बावलें

VIII. वाक्यांनी प्रयोग कर

पुनीत

जात–कात

वोंप

भूंय

धनी

उलो

IX. हे कवितेचो सारांश आपल्या उतरांनी बरय:

X. हे कवितेच्यो निमाण्यो **8 पंक्त्यो** तोंड पाठ कर

XI. भारत विविधतेचें पाळणें ह्या विशयाचेर चर्चा चलोवन एक परियोजन तयार कर

XII. "राष्ट्रीय एकवट" ह्या विशयाचेर एक प्रबंध बरय

XIII. प्रास शब्द विंचून बरय

आयलो – पावलो

वोंपताले – पावताले

स्थान – मान

पाठ – 15
गद्य

ती काळकी रात

U5G7V5



काळकी रातीक माटयां बिळां थावन भायर सरल्यो क्रूर प्राणियो आनी जीवदाळी वाटेन वच्या गरीब सोसयांक लेंवून हुंगून घात करतली. तांच्या कपटी स्वभावाक वळकून जाणा आसली सुकणीं – सवजां आदी तांच्या घोंटेरांनी येवन निदली. रडे, बयल, गायो, म्हशी तांच्या सांगात गोटयांनी आड पडल्यो. कुंकडानी तांच्या गुडांत रक्षण घेतलें, बुदवंत मनीस सुतां घराचीं दारां दांपून बसलो (निदलो), पूण धैरादीक काजुले सगळांक जाग्रत करूंक रानांत, गांवांत उबतले . जाल्यार निश्ठूर प्राणीयो भोळे माणक्यांक भियोसून आनी आळशी मनुश्या घरा दारांक मारन दोरी आनी गोणी घेवन माडयार नारल काडतल्यांक, राखवलीं सुणीं भोंकतली, ही कसले माजरांक पडनातले कित्याक तांका उंदरा क्डे खेळचे आसले, माजरां उंदरा फाटल्यांन धावन खेळतलीं, ते वेळारी रात अधीक जाली आनी क्रूर प्राणीयेंक चड धैर्य आयले, ताणी करचे अन्याय पळोवन किडी, मुयो रडताले, नातुंग शिरापातले, सुणे बांक दितालीं, वाग घोरोज घालतालो, भोल्पो हुयल्यो दितालो, मळबार एक भी नकेत्र, झळकानातुलें – जाल्यार अब्बुची बयल गाडी सराग चलतली. कश्टान संगिले, जीवाक

मारची गजालींक कान दीवन बयलांची दोरी खेळयताशीलो खंय चूडी दिस्ताल्यो. खंय व्हाळांनी व्हळच्य उदकाचो गुळगुळो नाद आयकातालो व्हार्याक रूकांची सुकी पानांचे विगंड गाज आयकातलो.

– ए.टी. लोबो

क्वी परिचय :–

'एट्येल' म्हणून नांवाडदीक जाल्लो तोमस लोबो कोंकणी चो कृतिकार, कोंकणींत सोबीत लांबकाणी (निळगथा) बरोंवच्यांत तो निपूण, ताणी तूं बरो जा, रगता खत, अमीशा देवाची खुशी, शिवंय, आनी शायिरी बरयल्यात . तांका शायरिचो राय म्हणतात .

आशय :

काव्यात्मक शैलीर काळक्या रातीचें वर्णन आमका वाचूंक मेळता. रोद प्रगती पर चलचें संकेत जाता डोंगरा थावन दिसच्यो चूडी बरें ज्ञानाचे संकेत दिता. निराशवाद सोणू भरवसेन जीण चलोंवक म्हण हांतू संदेश मेळता.

अभ्यास

I. शब्दाचो अर्थ

चूडी = उजो पेटोंवक करचे चुडेतेंचे काट
सराग = शीदा, अडकाळ नास्ताना
घात = मारन खांवचे,
काजुले = रातीच्या वेळार उजवाड दिंवची एक जीवी
दारुण = निर्दय
सुण्या बांग = सुण्यान मारची आवाज (विशिश्ट बोब)
क्रूर = भयंकर,
कपटी = मोस
घोरोज = वागाचो आवज

II. विरोध शब्द बरय

न्याय x		दांपतें x	
गरीब x		फाटल्यान x	
रात x		सुकीं x	
मुखार x		आसा x	

III. ह्या शब्दांचें लिंग विंचून बरय

आमचो राय		तांची भयण	
गांवचों तळें		हाचो मावळो	
उबचो पारवो		घरांतलें गाडव	
आमची गाय		ते धैरादीक काजुले	

IV. वचन खंचें बरय:

उज्याची चूडी		गुळगुळो नाद	
बुद्धंत जण		घोंटेरांतलीं सुकणीं	
क्रूर प्राणी			

V. ताळ मेळय

कुंकडां	गोटो	
सुकणीं	उंदरा	
म्हशी	चूड दाकयताले	
माजरा	गुडांत	
काजुले	घोंटरयानी	

VI. रिती सुवात भरः

1. वाटेन वच्चा गरीब सोसयांक लेंवून हुंगून घात करताले _____
2. कुंकडांनी तांच्या गुडांत _____ घेताली
3. माडयार भोंवडे काडताल्यांक _____ भोंकताली
4. ताणी करचो अन्याय पळोवन किडी मुयो _____

VII. ह्या वाक्यांतलें विशेशण विंचून बरय

बुदवंत मनीस – बुदवंत

विकाळ जिवदाळी – _____ धैरादीक काजुले – _____

क्रूर प्राणी – _____ काळकी रात – _____

सुकीं पाना पडताना – _____ सराग चलची गाडी – _____

VIII. दोन तीन वाक्यान जाप बरयः

1. काळके रातिचे वर्णन कर
2. काळके राती माजरा किते करता आसल्ली?
3. काळके रातीच्या पाठांत येवच्या प्राणींची नांवां बरय
4. अमासेच्या राती घरा भायर पळोवन ताचो विवार स्वंत उत्रांनी बरय.

IX. वाक्यांनी प्रयोग कर

1. आड पडलें _____
2. धैर लाभचें _____
3. दार धांपचे _____
4. वाट व्हर _____
5. बयलाची दोरी _____

X. वावरः एट्येलाची वेळ घडी कांदबरी वाचा

पाठ – 16
पद्य

म्हजो गांव



बाळका भासो, नेणत्यो हासो शिकलो; सप्ता सर्ग गांव,
फुलां, फळां, बेट बयल, गुडे, प्रफुल्लीत म्हजो मांयगांव
पर्मळीक मोगरी जायो जुयो आंबोलीं; शेंवतीं गोंडे,
आंबे, पणस, काजू, अलसंदे; बेंडे आनी गेंदाळी बोंड

गुणांत, घनांत; एकवोट प्रेमान, हेर समाजेंत मरजी
फेस्ता परबेंत, उल्लास हुमेद, परजेंत कितली गौवजी
खंयी आसों, कशेंय जियों, उगडास केलो तुपां–दुदांन;
मां–बाप, आजो, पोणजीं सरल्यांत आटवोन मातियो पावन

भांवडांनो तुमका आहवान दितां, सांबळन होरा मान
परजा परजळोंदी, उबार उबोंदी, गौरव आनी घन
चहरे उल्लसान, हुमेद भरोन, संतोस फांकोंदी गर्व नाका
धरती पवीत्र, जलम दिली माता सुपुत्र तिचो गौरव राका

सर्वेश्वरा लाभय म्हज्या गावांक, देशाक सर्वांक शांती;
पालेवन फुलून, फांकोन, परमळून, सूर्यो कांती
वरसां सरताना काळ संपताना, सुधारूं आमची चरीत्र
भरूं मोव, व्हाळूं दूद; जांव फुलां धरती पवित्र!

– कवी : जे. बी. सिक्वेरा

- **कवी परिचय :**

जे.बी. सिक्वेरा, मुंबयी (1937); उडुपी लागच्या पांगाळांत जल्मलो जोन ब्यापटिस्ट सिक्वेरा मुंबयींत वसती करता . कानडीं, तुळू, इंगलीश भाशांनीय ताच्यो, कविता परगट जाल्यात. 'काळजाचे उमाळे', 'एक सपण अधूरें', 'अशीं आयलीं ल्हारां' आनी 'चिकोळीं' ताचीं कविता पुस्तकां ताच्या 'अशीं आयलीं ल्हारां' पुस्तकाक केंद्र साहित्य अकाडेमीचो पुरस्कार लाभलां.

- **कवितेचे झळक :**

मांयगांवां थावून पयस पावलो कवी आपणे जल्मून व्हड जालां आपल्या गांवाचीं व्हडवीक शोभीत, साहितीक उतरांनी गायता. ह्या गांवचों मान आनी घन राकून शांती–समृद्धीची जीण करूंक उलो दिता.

अभ्यास

I. शब्दांचो अर्थ

बेट = उदकाचो आसरो उणो आसचें शेत;
मोगरीं = कळें (फुलां);
उमेद = उरभा;
आहवान = आपोवणें;
पोणजीं = आज्या – आजियेंचीं आवय बापय;
धरती = धरण, भूय;
बयल = निरंतर उदाक लाभचें शेत;
जायो = पर्मळीक कळें (ಜಾಜಿ)
गौवजी = संभ्रम;
चरीत्र = वर्तन

II. एकामेका मेळय

बाळकांच्यो भासो	हुमेद भरून	
संतोस फाकुंदी	पवीत्र	
फेस्ता परबेत	नेणत्यो हासो	
उल्लासान	उल्लास हुमेद	
धरती	गर्व नाका	

III. रिती सुवात भर

1. सर्वेश्वरा लाभय म्हज्या गांवांक देशाक सर्वांक _____
2. गुणांत, घनांत एकवोट _____ हेर समाजेंत मरजी
3. परजान परजळोंदी उबार उबोंदी _____
4. हुमेद भरुन _____ फांकुंदी गर्व नाका
5. फेस्ता परबेंत _____ परजेंत कितली गौवजी.

IV. एक वाक्यान जाप बरय :

1. कवी आपल्या गांवांत कितें शिकला?

2. कवीक आपल्या गांवांत किते केल्लो उडगास येता?

3. कवी भांवडांक कसलें आहवान दिता?

4. कवी सर्वेश्वर लागीं देशा पासत कितें मागता?

5. काळ सोंपताना कसलीं बदलावण जावच्याक कवी आशेता?

V. जमयाक मेळनातलो शब्द विंचून बरय :

1. फळां, बेट, बयल, गुडे
2. माता, धरती, आजो, पोणजीं
3. आंबे, बोंडे, पणस, काज
4. मोगरी, आंबोली, शिंवतीं, बेंडे
5. तूप, माती, दूद, म्होव

VI. देकी प्रकार जाप बरय

दाखलो : गोंडे – बोंडे

1. कांती –
2. नाका –
3. मान
4. गोवजी
5. सूर्यो
6. पावन
7. काळ
8. गांव

VII. मायगांवां विशीं आसच्यो हेर कविता तुजे कक्षांत आनी कुटमांत वाचून सांगा.

VIII. भारत देशाच्या लोकाक बरें आशेन्न तुज्याच उतरांनी बरय आनी शिक्षक/ शिक्षकीक दाकय.

IX. 'गौवजी' 'सरल्यांत' 'चरित्र' – ह्या शब्दांक आसचो वेवेगळो अर्थ आनी तो उपयोग जावचो संदर्भ समजून घे.

X. हे कवितेंत येवच्या फुलांची नांवां बरय

XI. हे कवितेंत येवच्या फळांची नांवां बरय

XII. कोंकणीक भाशांतर कर :

1. ನಾವು ಭಾರತೀಯರು ಭಾರತ ದೇಶದ ಪ್ರಜೆಗಳು.

2. ನಮ್ಮ ಊರು ನಮ್ಮೆಲ್ಲರ ಪ್ರೀತಿಯ ಊರು.

3. ನನ್ನ ಊರಿನಲ್ಲಿ ತುಂಬಾ ಹಸಿರು ಮರಗಳಿವೆ..

4. ಗಂಡು ಹೆಣ್ಣು ಎಲ್ಲರೂ ಒಂದೇ ದೇವರ ಮಕ್ಕಳು ನಾವೆಲ್ಲರೂ ಸಮಾನರು.

XIII. कन्नडाक भाशांतर कर :

1. म्हजो गांव मोगाळ लोकांनी भरला.

2. आमी एकामेका विश्वासान जियेंवकजाय.

3. जात भेद करचें बरे न्हय.

4. आमी सर्वे भारत देशाची भुरगीं

XIV. पळे, वाच, समज आनी बरय

राय – रायांचे – रायाक – राया

रूक – रूकाचे – रूकाक – रूका

देव –

वाग –			
शींव –			
मांकड–			

XV. पळे, वाच, समज आनी बरय

गूण – गुणांत		फळ – फळांत	
मन –		रान –	
समाज –		फेस्त –	
परब –			


XVI. एकेक वर्तुलांतलो एकेक शब्द विंचून वाक्यां रच

देव, आब घर, शिक्षकी मनीस, कोंकणी मास्तर आवय	भास घर इस्कूल मार्ग	लाब रूंद व्हड ल्हान सोभीत	आसा ना जाता जायना

ताचें तिचें आमचें हांचे हांका तांका	चल नाच हास वच बस हाड व्हर दी घे कर	हांगा थंय लागीं पयस

पाठ – 17
गद्य

'इंडिया - 2020'



अवुल पकीर जैनुलब्दीन अब्दुल कलाम – म्हणचे डा.ए.पी.जे. अब्दुल कलाम १९३१ इस्वेचे अक्टोबर १५ रामेश्वरांत जल्मलो. तो भारताचो ११ वो राष्ट्रपती जावन आशिलो. निश्कळंक निस्वार्थी सेवा द्वारी 'लोकाचो राष्ट्रपती' म्हण नांव पावलो .

तो एक बुदवंत विज्ञानी. तिरुचिरपळ्ळींतलें सैंट जोसेफ कॉलेजांत शिकलो. मेड्रास इनस्टिट्यूट ऑफ टेक्नालोजींत, एरोनेटिकल इंजिनियरिंगात डिपलोमा आपणायलो.

भारत सरकाराचे DRDO आनी ISRO त वावर ताणे केले. ताणे भारत सरकाराचे DRDO आनी ISRO हांत वावर केले . एस.एल.वी–3 उपग्रह अंत्रळाक यशस्वेन उबयले आनी मिसायलां तयार करचे काम खूब जवाबदारी घेतली ताका Missayal Man of India म्हणतात . डा.ए.पी.जे अब्दुल कलामान 'विग्ंस ऑफ फायर' 'सांयटिस्ट टू प्रेसिडेंट' 'इग्नैटेड मैंड्स' 'इंडिया मै ड्रीम', 'इंडोमिटेबल स्पिरिट' 'इंडिया – 2020' म्हळ्ळी पुस्तक बरयलात.

ताका पद्मभूशण, पद्मविभूशण, भारत रत्न हूवर रेवेग्ले गौरव डाक्टरेट मेळें .

इंडिया – २०–२० : ह्या पुस्तकांत डा. कलामान भारत २०२० वे इसवेंत, विज्ञानांत एक प्रबल शक्ती जाता म्हण सांगला. परिणता आनी श्रध्दा द्वारीं विशिश्ट चिंतन, सामाजीक रुपांतर आनी बदलापाची गरज भारताक आसा म्हण ताणे सांगला. २०० मिलिया खाण उत्पादन करुन आसच्या भारतान उणे सुवातेर, उणे उदकान वावरन ४०० मिलिया टण खाण उत्पादन करयेत म्हणला. हाका सगट क्षेत्रांत नवीन तंत्रज्ञानांत वापरका म्हण सांगला. हाचेन सगळे भारत देशाचे उदारगती जाता म्हण सांगला.

मुळावें संरचन :–

भारताचे हर एक गांव सहीत सगट कडेन विमान थळ, तारवॉ थळ, रैल संपर्क आनिकय अभिवृध्दी जांवक आनी निर्माण क्षेत्र वाडूंक जाय. मूळभूत सौकर्यां वृध्दी करचाक ह्या परिणीत मनशा वावराची अधिक गरज आसा.

वीज सकत:– २०३० ह्या वरसा भितर आमी भारतीयांनी वीज़ सकत उत्पादन करचाक शेतांत क्रांती करुन स्वावलंबी जावंक जाय हाका नैसर्गीक जळवा उपयोग करका. आनी 40,000 मेगाव्याट गरज पडतालीं. सूर्याची दवान वारें आनी दावे थावन लगबग 120,000 मेगाव्याट तरयी वीज़ सकत आमी 2030 ह्या वरसा भितरी उत्पादन करचें.

उदकाची सवलत :–

राज्यांतल्या न्हंयांचो संपर्क एकामेका जोडून उदकाची संपत्ती वाडोंवच्याक हांवे एदोळच राज्य सर्कारांक सलहा दिल्या । सबार राज्यानी हे आपले खुशी जाहीर केल्या आनी उरबा दाखयल्या . अशें केल्यान अवराच्यो अवजाळ्यो, खाणाचो तत्वार सगळें वरस जाय पूर्तें उदाक आनी वीज सकत मेळतालें.

ग्रामीण अभिवृध्दी :–

भारतांत गांवांची उदरगतीक (तशेंच) शिकपा संस्थें, भलायके केंद्रां, नवें मार्ग, घरां बांदून दीवन, विक्रया उगडचे PURA (Providing urban Amenities in Rurala Area) योजन आसा.

देशांत ७००० केंद्रां आसातलीं, कृशी मात्र न्हय कृशी उत्पन्नांचें परिश्करण, ग्रामीण उद्योग अवकाश चडोंवचें, दुदाचें उत्पन्न वाडोवंचें, मसली पागचें उद्यम आनीक्यी बळावीक करपाक हे उपयोग ।

सामाजीक, संश्शोधानात्मक आनी तांत्रीक प्रगती जोडचें विशय हांव उलयला. । त्या शिवाय जागतीक पांवच्यार आमच्या भारताक आर्थीक प्रगती जोडूंक साबार अवकास उगते आसात .

भाषांतर – डोल्फी लोबो, कास्सिया

लेखकाची वळख :–

आशय :

भारत देश प्रगती जोडल्लो देश जावचयाक ए.पी.जे अब्दुल कलामान सपणेलें सपण पाठांत वाचूंक मेळता – प्रगतीपर दृश्टीचें दाखलो जावन हें समजूवेत . हें वाचल्या वर्वीं देशा थंय आमची जवाब्दारी चडता .

अभ्यास

I. शब्दांचो अर्थ

एरोनेटीक = विमानां बांदचें आनी उबोंवचें शिकप; दाव = धग, हुनसाण, गरमी
खूब = वर्तो, मस्त

II. विरोद अर्थांची रुपां बरयात

1. निस्वार्थी x ☐ 2. नैसर्गीक x ☐ 3. बळाधीक x ☐

III. अन्य वचना रुपां बरयात :

केंद्रां ☐

न्हंय ☐

मारग ☐

आमी ☐

IV. एकामेकाक मेळयात:

अब्दल कलामाचो जल्म	२०००	
वीज़ सकत	१९५०	
केंद्रा	१९३१	
भारत दर्शन	२०३०	

V. एक वाक्यान जाप बरय :

1. ए.पी.जे अब्दुल कलाम हांचें पूर्ण नांव कितें?
2. ए.पी.जे अब्दुल कलाम केदाळा खंयसर जल्मालो?
3. ए.पी.जे अब्दुल कलाम भारताचो कितल्यावो राष्ट्रपती?
4. ए.पी.जे अब्दुल कलाम हाका भारताचो मिसायल मनीस म्हण कित्याक आपयतात?
5. ए.पी.जे अब्दुल कलामान खंयच्या विशयांत डिप्लोमा अपागयो आपणायलो?

VI. ह्या सवालांक दोन व तीन वाक्यानी जवाब बरय:

1. ए.पी.जे अब्दुल कलाम लोकाचो राष्ट्रपती म्हण नांवाडूंक कारण कितें?
2. ए.पी.जे अब्दुल कलामान भारता विशीं कसले भविश्य सांगला?
3. ए.पी.जे अब्दुल कलामान बरयलीं पुस्तकाचें नांव बरया
4. अब्दुल कलामाक मेळळे प्रशस्ती बरय
5. उदकाचो तत्वार कसो आडवयेत?

VII. रिती सुवात भर :

1. अब्दुल कलाम भारताचो _____ वो राष्ट्रपती.

2. निश्कळंक, निस्वार्थी सेवे द्वारी _____ म्हण नांव पावलो.

3. भारताचें भविश्य उचारन कलामान लिखल्लें लेखन _____

4. भारताचो जनसंको 140 करोडांक पावताना गरज पडची वीर सकत मे.व्या _____

VIII. वाक्यांनी प्रयोग कर

1. वापर _____

2. नांवाडदीक _____

3. सवलताय _____

4. वावूर _____

5. निश्कळंक _____

IX. देकी प्रमाणें बरय:

जिरय – जिरोवणी उरय _____ भेटय _____

X. सकयल्या शब्दां पयकीं नामां, विशेशणां आनी क्रिया पदांची विविंगड वळेरी तयार करा:

लीख, उत्पादन, नांवाड, खूब, प्रगती, वापार, उदाक, वैज्ञानीक

XI. देकी प्रमाणें सकयल्यो शब्दांचीं सामान्य रूपां बरयात

सेवा – सेवे

गांव – _____ दिशा – _____

प्रगती – _____ आशा – _____

XII. सकयलीं नामां आनी तांचीं विशेशण रुपां गुमनांत दवरात

राष्ट्र – राष्ट्रीय, निसर्ग – नैसर्ग्रीक, ग्राम – ग्रामीण
विज्ञान – वैज्ञानीक, प्रदेश – प्रादेशीक

XIII. कन्नड वा इंग्लीशाक अनुवाद करात

1. तो योजनाधिकारी जावन कामाक लागलो .
2. शंबर मिलियां घरां उबीं करचाक योजन तयार जाता .
3. तांत्रीक प्रगती जोडचे विशीं हांव उलयला .

XIV. टिप्पणी बरय

कृशी आनी खाण, वीज़ सकत, उदकाची सवलत, ए.पी.जे अब्दुल कलाम

XV. दाकल्या प्रकार बरय

1. एरोनटीक – विमाना बांदचे आनी उबोवचेल शिकप
2. आस्ट्रोलजी
3. आस्ट्रोनोमी
4. आर्कियोलोजी
5. तियोलोजी

XVI. अब्दुल कलामान लिखलली थोडीं लेखना वाचूंक प्रयत्न कर.

XVII. भारताचें प्रगतें विशीं समीक्षा करून बरय.

XVIII. तुज्या चिंतपा प्रकार भारताची अभिवृध्दी खंचय क्षेत्रांत जावंक जाय? सांगत्या सांगी चर्चा चलोवन योजना तयार कर.

पाठ – 18
पद्य

बरें करुन राबात सगळें



बरें करुन राबात सगळें
प्रयत्न केल्यार कोण ना दुबळें
आतां पुरोजालें तें सोदून काडचें
कोण गोरें आनी कोण काळें (१)
कोण सकळ आनी कोण वयलें
कोण आमचे आनी कोण वेगळें
कोण मुखार आनी कोण माग्गलें
कोण होळळे आनी कोण धाकलें (२)
खुशालेचेर हो राबत सगळें
सर्वधर्म हे जवळे – जवळे
सांगात सोदात मनशा – मनशांत
वाटेपनेमाने भेद हे जालें (३)
मुळामितीची रुकाक रूपा आयलें,
खोडामितीचेत नीट उबरालें
सूर्यवार्यथान पानानी घेतलें
फुलांफळां दीवन सार्थक जालें (४)

–कवी : सुधीर कोडकणी

कवितेचे झळक:

मनशान मनशांक कितेंच भेद भाव नास्ता वळखून एकामेकाच्या बरेपणान संतोस सोदूंक कवी हे कविते द्वारीं उलो दिता . संस्कृती आनी संस्कारांत वाडोन उंचलेपण आपणायचे म्हण कवी सांगता .

अभ्यास

I. शब्दांचो अर्थ

राबात = रावात;
होळळे = होड;
वांटेपनेमाने = वेवेगळ्या कसबा परमाणे;
खोडामिती = उंचलेपण
माग्गले = पाटीं;
जवळे = जोड व सांगता जल्माले;
मुळामिती = संस्कृती/संस्कार

II. एका वाक्यांन जाप बरय:

1. प्रयत्न केल्यार कितें जाता?

2. सर्व धर्म कितें आसात?

3. आमी कशें रावचे म्हण कवी सांगता?

4. मनीस मनशा थावन कितें सोदता?

5. मनशा मधें भेद कशें जालें?

III. दोन वा तीन स्वंत वाक्यांनी जाप बरय:

1. कितें सर्व सोदून काड़चें पुरो म्हण कवी सांगता?
2. जीवीत सार्थक कशें करयेत म्हण कवितेच्या आधारार विसकऴान बरय
3. कवितेच्या निमाण्या चार पांक्तिंचो संदेश बरया.
4. हे कविते थावन तूवें तुजे जिणीयेक लगती करचो संदेश कसलो?

IV. 'फुलां – फळां' ह्या जोड शब्दांत आसचे दोन शब्द खंचे? कोंकणी भाशेंत येवचे असलेच 8 जोड शब्द सोदून काडून बरय.

V. हे कवितेंत 'कोण' हे शब्द कितले पावटीं आयला? हो शब्द खंयच्या अर्थार उपयोग केला म्हळळें समझून बरय

VI. हे कवितेंतलें प्रास शब्द विंचून बरय.
